**कांपालार 10 ते 12 जानेवारी मेरेन अक्का गोवा मेगा फिश फेस्टिव्हलाचे आयोजन**

ता. 7 जानेवारी 2025

गोंय सरकाराच्या नुस्तेमारी संचालनालया वतीन 10 ते 12 जानेवारी मेरेन कांपाल मैदानाचेर अक्का गोवा मेगा फिश महोत्सवाचे आयोजन करपात येतले. महोत्सवात वेगवेगळ्या जातींचे नुस्तें आनी सागरी जीवांवळींच्या प्रदर्शना सयत विंगड विंगड सर्ती, खाणां-जेवणांचे स्टॉल्स, लोकनाच आनी हेर करमणूक कार्यक्रमांचे आयोजन करतले.

नुस्तेमारी वेवसायिकांक सरकारी येवजण्यों आनी नुस्तेंमारी वेवसायांतल्या आधुनिक तंत्रज्ञानाची म्हायती करून दिवप तशेंच युवकांक ह्या वेवसायाकडेन आकर्शीत करप हो अक्का गोवा मेगा फिश महोत्सवाचो उद्देश आसा. गोंय राज्य नुस्तेंमारी संस्कृती आनी वेवसायाखातीर फामाद आसून लोकांनी महोत्सवाक भेट दिवन महोत्सव यशस्वी करपाक सहकार्य करचे, अशें नुस्तेमारी संचालनालयान मागला.

चड म्हायती खातीर नुस्तेंमारी खात्याच्यो अधिक्षक श्रीमती जिज्ञासा मुरकर हांचे कडेन (मो. नं. 8407973579) संपर्क करचो.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/25

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.